**नारी शक्ती पुरस्कारा खातीर अर्ज मागयल्यात**

ता. 17 सप्टेंबर 2022

केंद्रीय बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालयावतीन प्रत्येक वर्सा नामनेच्या बायलांक ''**नारी शक्ती पुरस्कार**'' हो राष्ट्रीय पुरस्कार भेटोवन आंतरराष्ट्रीय बायलां दीस मनोवपात येता. 2023 वर्सा 8 मार्चाक आंतरराष्ट्रीय बायलां दीस मनोवपात येतलो.

मंत्रालयान **नारी शक्ती पुरस्कारा** खातीर अर्ज मागयल्यात. बायलांच्या आर्थिक आनी सामाजीक सशक्तिकरणाखातीर उत्कृश्ट कार्य करपी बायलांक हो पुरस्कार भेटयतात. पुरस्कारा खातीर नामांकन दितल्या बायलेची पिराय कमीत कमी 25 वर्सां आसपाक जाय. रोख दोन लाख रूपया आनी प्रशस्तीपत्र अशें पुरस्काराचे स्वरूप आसा. पुरस्कारा खातीरचे अर्ज आवश्यक दाखल्यासयत www.awards.gov.in. ह्या व्हेबसायटीवयल्यान ऑनलायन धाडपाक जाय. तशेंच मंत्रालयाच्या www.wcd.nic.in ह्या व्हेबसायटीचेरय लिंक उपलब्ध आसतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/545

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity

3rd Floor, Udyog Bhavan,

Near Azad Maidan, Panaji